10th March 2026 7.25am

आकाशवाणी पणजीच्या,

प्रादेशिक खबरा

रश्मि

गोंय राज्याची अर्थिक स्थिती शाबुत दवरुन, अर्थिक नियोजन करपाच्या नदरेतल्यान सरकारान काम करचे. राज्याचो रिणाचो आकडो वाडटा, काडिल्ले रिण सरकार कशा पध्दतीन फारीक करतलो काय, असो प्रस्न बाणावलीचे आमदार वेन्झी विएगश हांणी मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांकां केलो. ह्यावेळार गोंयचो gsdp आकडो ३० टक्कयावेल्यान २७ टक्कयार पावला, अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. जाल्यार, ही आकडेवारी २५ टक्याचेंर हाडपाच्या नदरेतल्यान सरकार काम करता, अशी म्हायती तांणी दिल्या. गोंय राज्याची अर्थिक परीस्थिती घटमुट आसुन, २०२१ वर्सासांवन सरप्लस बजेट आसून FRBM लिमिटाप्रमाण आसा. निति आयोगान गोंयांक राज्या फीस्कल मेनेजमेन्ट पावंड्यार तीसरो नंबर दिला, अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.

रश्मि

सरकारान टॅक्सी एग्रीगेटराविंशी मसूदो धोरण तयार केला तो रद्द् करचो, अशी मागणी विरोध पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी विधानसभेत केली. प्रसनोतराच्या वराक तांणी गोंयातंल्या टॅक्सी वेवसायिकांचो विशय सुटावो करपाक सरकार किते उपाय येवजण करता काय, असो प्रस्न केल्लो. तशेच सरकारान जो एग्रीगेटर मसुदो धोरण तयार केला, ताका ९३ टक्के टॅक्सी वेवसायिकांनी म्हणलयार सुमार ३ हजार ८०३ अर्ज सादर करुन विरोध केला. जाल्यार, फकत २९० जणांनी ह्या मसुद्याक सहमती दाखयला. ८ म्हयने जाले तरी लेगीत सरकार संबंधित प्रस्न सुटावो करपाक अपयेसी थारला, असो आरोप तांणी ह्यावेळार केलो.

ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर  प्रमोद सावंत हांणी, एकदा नवे डीजीटल टॅक्सी धोऱण तयार जाले, काय आदलो मसुदो धोरण रद्द जातलो, अशे सांगले.

ह्या प्रस्नाक जाप दितना येरादारी खात्याचे मंत्री  माविन गुदिन्हो हाणी सध्या भाजी , किराणाचे सामान लेगीत ऑनलायन जाला, अशे म्हणीत गोंयचो ट्रक्सी वेवसाय डीजीटल जावप महत्वचे आसा, पर्यटकांक तशेच थलाव्या लोकांक ह्या डीजीटल माध्यमातल्यान टॅक्सीची बरी सेवा मेळटली, अशे म्हणले.  तशेच टॅक्सी वेवसायिकांचे प्रस्न सुटावे करपाक, फुडल्या ८ दिसाभितर येरादारी खात्याच्या अधिकाऱ्यावांगडा बसका जातली. ह्या बसकेत टॅकसीकारांचे जे बारीक सारीक प्रस्न उरल्यात ते सुटावे करपाच्या नरेतल्यान काम करतले, अशी म्हायती मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी दिल्या.

विजय माफी

विधानसभा अधिवेशनात गॅलरीतल्यान निशेदाचे तक्ते दाखोवपी घडणुकेची गंभीर दखल घेवन सभापती गणेश गावकर हाणी आमदार विजय सरदेसाय हांका 24 वरा भीतर बिनशर्त माफी मागपाक सांगला ना जाल्यार नेमा प्रमाण कारवाय करपाची शिटकावणी सभापतीनी दिल्या. तशेच सभाघरात निशेदाचे तक्ते दाखोवपी चार जाणाक विधानसभा संकुलात प्रवेश करपाचेर बंदी घाल्या.

तक्ते दाखोवपी 4 जाणाक विजय सरदेसाई हाणी पास दिल्ले. तशेच ह्या पुराय प्रकरणात विजय सरदेसाय हांचो हात आशील्याचे चवकशीत दिसोन आयला. हे प्रकार सोसचो ना, अशी शिटकावणी सभापती गणेश गावकर हाणी दिल्या.

गणेश

पणजी म्हापालिका वेंचणुके खातीरचो जाहीर प्रचार काल सोपलो. पणजी म्हापालिकेच्या 30 प्रभागांखातीर 69 उमेदवार वेंचणूक रिंगणात आसा. पणजी म्हापालिके खातीर फाल्या  11 मार्चाक मतदान जातलें. बाबूश मोन्सेरात हांचे

फुडारपणा खाला भाजप पॅनल आनी उत्पल पर्रीकार हांचे फुडारपणा खालच्या पॅनलामदी थेट लडत जातली. जाहीर प्रचार सोपिल्ल्यान उत्तर गोंय जिल्होधिकाऱ्यांनी भारतीय न्याय संहितेच्या 163 कलमा खाला, जमावबंदीचो आदेश जारी केला.

राजेश

गोवा पर्यटन खाते आणि साखळी शिमगोत्सव समिती हांच्या संयुक्त जोडपालवान, 10 आणि 11 मार्च अशे दोन दिस, "लोकोत्सव 2026" कार्यावळ जातली. साखळी रवींद्र भवनालागीं सांजे 3:30 वरांचेर जावपी उक्तावण सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हूण मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हजर असतले.

FIH

FIH बायलां हॉकी विश्वचषक 2026 क्वालिफायर मॅचींत, काल सांजे हैदराबादांत जाल्ले दुसरे पूल बी मॅचींत, भारताकडेन स्कॉटलंडान 2 आड 2 अशी बरोबरी केली. हैदराबाद आनी सांतिआगो हांगा पयलें, दुसरें आनी तिसरें सुवातेर येवपी पंगडांक, 2026च्या बायलां हॉकी विश्वचषकाखातीर थेट पात्रताय मेळटली.

वेदर

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 32.6 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 24.4 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

आणि इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले आयज सांजे ७ जावन २० मिनटांचेर, नमस्कार